**भारतीय आंतरराष्ट्रीय विज्ञान महोत्सव कार्यक्रम**

ता. 15 नोव्हेंबर 2021

भारतीय आंतरराष्ट्रीय विज्ञान महोत्सव-21 कार्यक्रमाचे उक्तावण फाल्या ता. 16 नोव्हेंबर 2021 दिसा दनपारां 12.00 वरांचेर संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जातले. भुंयशास्त्र - विज्ञान मंत्रालयाच्यो जोड सचीव श्रीमती इंदीरा मुर्ती, विज्ञान भारतीचे राष्ट्रीय आयोजन सचीव श्री. जयंतराव सहस्त्रबुध्दे, शास्त्रज्ञ डॉ. अरविंद रानडे आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

ह्या वर्सा गोंयची 7 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय विज्ञान महोत्सवाचे स्थळ म्हुण निवड जाल्या. भुंय विज्ञान मंत्रालय, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्रालय, विज्ञान भारती आनी गोंय सरकाराच्या सहकार्यान महोत्सवाचे आयोंजन करपात येतले. 10 ते 13 डिसेंबर 2021 मजगती महोत्सव जातलो. 2000 निवासी प्रतिनिधी आनी 2500 विद्यार्थी प्रतिनिधीचो महोत्सवात सहभाग आसतलो. .

विज्ञान-तंत्रज्ञान विशयाचेर मेगा-एक्स्पो ह्या महोत्सवाचे खास आकर्शण आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/953

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji